Regional 21st May 7.20 pm

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी गोंय भेटेवेळार आयज मुरगाव बंदरांतल्यामहत्त्वाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण करून ते प्रकल्प देशाक समर्पित केलें.मुरगावबंदर भारताच्या दर्यावेल्या बळग्याचेंप्रतीकआसा अशें ताणी म्हळा. मुरगाव बंदरांचीगोंयचे अर्थवेवस्थेंत म्हत्वाची भुमिका आसा आनी भारताच्या वेपार आनीउद्देगीक उदरगतींत मोलादीक योगदान दित आसा अशें तांणी सांगलें. अमृत काल व्हिजन 2047 खाला संवसारीक पांवड्यावेलीं बंदरांबांदपाचो सरकाराचो हेत आसा, जाका लागून भारताची निळी अर्थवेवस्था घटमूटजातली आनी टिकावू उदरगत सुनिश्चीत जातली अशे ताणी मुखार सांगले.

विकसीत जावपी भूराजनीतीकआव्हानां मदीं दर्यां नेमाचेर आदारिल्ली पद्दत चालीक लावपाचें म्हत्वचेर भर दितना उपराष्ट्रपतीनी म्हळे (बाइट्स ) . उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी
भारतीय तटरक्षक दळाच्या समर्पण, धैर्य आनी सेवेची आपल्या उलोवपा तल्यान
तोखणाय केली.

पणजी दोनापावल राजभवनात आर्युवेदा उपचिरपद्धतीचो उपेग करून शस्तक्रीयचे जनक श्रुश्रुत आनी आर्युवेदाचे जनक आचार्य चरक हांच्या पुतळ्याचे उप राश्टपती जगदीप धनकर हांच्या हस्तुकी उक्तिवण जितले ही कार्यिवळ सकाळी 9.30 वराचेर जातली अशी म्हायती राज्यपालाचे सचीव संजीव गावस देसाय हांणी पत्रकार परीशदेत दील्या. हयावेळार गोंयचे राज्यपाल पी.एस.श्रीधरन पिल्लय तशेंच गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाजीर रावतले. हया कार्यावळी दरम्यान 1008 झाडा आशील्ल्या वामन वृक्ष उद्यानाचे लेगीत उक्तावण जातले अशी म्हायती संजीव गावस देसाय हांणी दील्या.

Rashmi 135

पणजी म्हापालीका ,गोंय पुलीस आनी स्कॅन – गोंय हांच्या जोडपालवान पणजेच्या कदंबा बस स्टँडांचेर ‘सेफ्टी फर्स्ट हया उपक्रचे येरादारी मंत्री मावीन गुदीन्हो हांच्या हस्तुकी आयज उक्तावण जाले. गोंयांतल्या बायलां आनी भुरग्यांक सशक्त करप तशेंच तिंचेर अन्यिय जालोजाल्यार सरकारी पावंड्याचेर खंय मजत मेळटली हांची जागृताय हया उपक्रमावरवी जातली.बायलांक वा भुरग्यांच्या गुन्हावात घुसपील्ल्या गुन्हावकारांक 7 वर्सां बंदखण वा मरापर्यंत ख्यास्त जाव येता.असो प्रसंग आयल्यार 112 वा 109 हया हेल्पलायनीचेर संपर्क कचो अशे आवाहन हयावेळार मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी गोंयकारांक केला.

हया मोहीमेच्या फांटभुयेर कदंब बशी, खाजगी बशी, टॅक्सी, आनी रिक्षांभितर आनी भायर जागृताय पोस्टर आनी हेल्पलायन स्टिकर लायले.हया उपक्रमातल्यान बायलां आनी भुरग्यां खातीर सुरक्षीत

आनी सुरक्षीत भौशीक प्रवासाक चालना मेळटली अशी म्हायती ह्यावेळार पणजी म्हापालीकेचे मेयर रोहित मोनसेरान्त हांणी दील्या.ह्यावेळार पणजी म्हापालीका, कदंबा म्हामंडळ तशेंच स्कॅन गोवाचे अधिकारी आनी पणजेच्या डॉन बॉस्को कॉलेजीचे विद्यार्थी हाजीर आशील्ले.130

Ganesh 115

जे आदिवासी गोंयांत 100 वर्सांपरस चड तेप जमीन कसतात तांका मालकी हक्क मेळपाक जाय. हे विशीची कायद्यात तजवीज करपाक जाय. राष्ट्रीय अनुसूचीत जमाती आयोगाचो अध्यक्ष हे नात्यान गोंय सरकाराक हांव ही शिफारस करतलो, अशें आयोगाचे अध्यक्ष अंतरसिंग आर्या हांणी सांगलें. राष्ट्रीय अनुसूचीत जमाती आयोगाचे अध्यक्ष अंतरसिंग आर्या हे मंगळारा गोंयांत पावले. आयज बुदवारा तांणी गोंय सरकारच्या अधिकाऱ्यांकडेन बसका घेतल्यो. हाचे उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयताना तांणी ही म्हायती दिली. शेती करपी आदिवासींक आजून मेरेन जमनीचे मालकी हक्क मेळोक ना, ही गंभीर गजाल आसा, अशें तांणी पत्रकार परिशदेत म्हणले. मुखेल सचीव डॉ. कांडावेलू, राष्ट्रीय अनुसूचीत जमाती आयोगाचे सचीव पुनीतकुमार गोयल तशेच गोंयच्या आदिवासी कल्याण संचालनालयाचे अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्लें. बसकेत आदिवासीं खातीर आशिल्ल्या येवजणेच्या कार्यवायेचो नियाळ जालो.

70

भाजपा एसटी मोर्चाच्या शिश्टमंडळान आयज पणजी हांगा अनुसुचीत जमाती आयोगाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष अंतरा सिंग आर्य हांची भेट घेतली आनी गोंयांतल्या एसटींक गोंयांत राजकी आरक्षण दिवपाच्या वावराक गती दिवची अशी मागणी केली.
भाजपा एसटी मोर्चाचे अध्यक्ष प्रभाकर गांवकार, उपाध्यक्ष अँथनी बार्बोझा आनी सरचिटणीस मोहन गांवकार हांच्या शिश्टमंडळान आयज पणजे हांगां आर्या हांची भेट घेतली. आर्या हे सध्या गोंयांत आयिल्ले आसात. तांचेकडेन एसटींच्या हेर मागण्यांचेय निवेदन दिला अशी म्हायती गावकार हांणी दिली.

90

मडगांवसावन कुडचडे वचपी वाहनांखातीर मुखेल रस्तो आशिल्ल्या रावणफोंड-मडगांव हांगाच्या रेल्वे उड्डाण पुलालागसारची रस्त्याच्या कडेची माती काल पडिल्ल्यान पावसान कोसळूंक लागिल्ल्यान सुरक्षेचाे उपाय म्हूण हो रस्तो येरादारीक बंद केला. ह्या रस्त्याच्या दुरुस्तीचे काम हातात घेतला आणि फाल्यांमेरेन ते पुराय जातले अशी म्हायती दक्षिण गोेंयचे अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्रीनेत कोठवाळे हांणी दिली. कालसावन पडपी पावसाक लागून मडगांवां कांय सुवातींनी झाडां पडपाची घडणूक घडल्या. तर कांय सुवातींनी घराभितर उतर रिगपाची घडणूक घडली. मात आता सगळीं

परिस्थिती नियंत्रणाखाला आयल्या आनी जे लोक अडचणेत सापडल्यात तांकां फावो ती मदत प्रशासनान केल्या अशी म्हायती मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत हांणी दिली.

आदलो प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांची आयज पुण्यतीथी. हे फांटभुयेर आयज कॉंग्रेस हावसात श्रध्दांजली दीवपाची कार्यावळ जाली.राजीव गांधी हांणी भारत एक शांतीकायेन आनी एकचारान रावपी देश ही भारताची ओळख हेर देशामुखार तांच्या कार्यकाळात दवरली अशे मत ह्यावेळार कॉंग्रेसीचे गोंय प्रभारी मानीकराव ठाकरे हांणी व्यक्त केले.जाल्यार आकांतवादाक जण एकल्यान एकठाय रावुन तोंण दीवप ही आयच्या काळाची गरज जांवन आसा अशे मत ह्यिवेळार दक्षीण गोंयचे खासदार कॅप्टन वीरीयतो फर्नाडीस हांणी व्यक्त केले.गांधी घराब्याक गोंयाप्रती आनी गोंयकारावीशी खुप मोग आशील्लो अशे मत ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला. जाल्यार राजीव गांधीच्या विचारसरणीचो आदर्श घेवन आयज भारत शांतीकायेन आनी आतंकवाद विरयत देश करपाची गरज आसा अशे मत ह्यावेळार कॉंग्रेस प्रदेशाध्यक्ष अमीत पाटकार हांणी व्यक्त केला. कॉंगेस हावसात श्रध्दांजली कार्यावळीसयत कॉंग्रेस पक्षाच्या कार्यकर्त्यांनी बांळो गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या वाठारात आशील्ल्या पुतळ्याक फुला घालुन आर्गां ओपली bytes

१३५

टॅक्सी तशेच भाड्याच्या मोटारसायकलींक एप एग्रेगेटरा सकयल हाडपा खातीर सरकारान गोंय येरादारी एग्रेगेटर मार्गदर्शक तत्वांचो प्रस्तावीत मसूदो अधिसूचीत केला. भाड्याच्या टॅक्सीं सयत भाड्याच्यो मोटारसायकली लेगीत एपा सकयल हाडपाची तजवीज आसा. येरादारी खात्याचे संचालक प्रवीमल अभिशेक हांणी पत्रकार परिशदेत ही म्हायती दिली. हो प्रस्तावीत मसूदो हरकती तशेच सुचोवणे खातीर 30 दिस उक्तो आसतलो. सुचोवण्यो आनी हरकतींचो विचार केले उपरांत मार्गदर्शक तत्वां निश्चीत जातली. एप एग्रेगेटराक परवानो घेवपा खातीर 5 लाख रूपया शुल्क आसतले. कितलेय एग्रेगेटर परवाना घेव शकतात. तशेच टॅक्सी वा मोटारसायकल पायलट आपणाक जाय ते एप सेवेत दाखल जाव शकता. एप सेवेत दाखल जावप इत्सुक आसा. कोणाचेरूच सक्ती आसची ना, अशें मार्गदर्शक तत्वांमदी स्पश्ट केला. तशेच टॅक्सी ड्रायव्हराक थारावीक रक्कम एग्रेगेटराक दिवचीच पडटली. दर एकल्याक बरी टॅक्सी सेवा दिवप हो वाहतूक एग्रेगेटर मार्गदर्शक तत्वां लागू करपा फाटलो हेत आसा, अशें येरादारी संचालक प्रवीमल अभिशेक हांणी सांगलें.

म्हालगडे शिक्षण प्रसारक आनी कुंकळ्ळी हांगाच्या इन्फट जिझस हायस्कुलचे संस्थापक आनी शिक्षक सुब्राय प्रभुदेसाय हांकां आयज कुंकळ्ळी हांगा दुखेस्त मरण आयलें. तांची पिराय ९२ वर्सां आसली. फाल्यां २२ मे दिसा रिवण हांगा तांचे कुडीचेर निमणे संस्कार जातले. पुलीस उपअधीक्षक राजेंद्र प्रभुदेसाय आनी अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश राम प्रभुदेसाय हांचे ते बापूय जावन आसात. ह्या दोगां

पुतां भायर ताका ताची घरकान्न ललिता आनी व्हडलो पूत आनंद, सुना◌े आनी नातरां असा◌े तांच्या फाटल्यान परिवार आसा.

प्रभुदेसाय हाणी स्वत: इन्फट जिजस हायस्कुलाची थापणूक केली. ते उपरांत ताणी जायतीं वर्सां त्याच शाळेत शिक्षक आनी मुख्याध्यापक म्हूण काम केलें. ते एक समर्पित शिक्षक आशिल्लें. शिक्षण मळावयल्या तांच्या कामाचो गौरव करपाखातीर गोंय सरकारान तांचो राज्य शिक्षक पुरस्कार दिवन ताचो भोवमान केल्लो.